# मुख्यमंत्र्यांहस्तूकीं दक्षता सप्तकाचे उक्तावण

ता. 30 ऑक्टोबर 2017
8 कार्तिक 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी आयज सचिवालयातल्या परिशद सभाघरात दक्षता संचालनालय आनी सर्वसादारण प्रशासन संचालनालयान आयोजित कार्यक्रमात दक्षता सप्तकाचे उक्तावण केले. ''भ्रश्टाचारमूक्त भारत-म्हजो दिशटावो'' अशी संकल्पना आशिल्लो दक्षता सप्तक 3 नोव्हेंबर मेरेन चलतलो. मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा, विशेश सचिव श्री. गोविंद जयस्वाल, भ्रश्टाचार विरोधी शाखेचे श्री. बॉस्को जॉर्ज आनी दक्षता खात्याचे संचालक श्री. संजीव गावस देसाय ह्या वेळार हजर आशिल्ले. ह्यावेळार मुख्य सचिवान उपस्थीत अधिकाऱ्याक एकता दीसाचो सोपूत दिलो.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान एकतेचे म्हत्व पटोवन दिवन अधिकाऱ्यांनी आपल्या सेवा काळात ताका पाळो दिवपाक सांगले. मुख्यमंत्र्यान दक्षता खात्याची कार्यक्षमता वाडोवन प्रलंबीत आशिल्ली प्रकरणां निकालात काडपाखातीर सूरू केल्ल्या प्रयत्नाची माहिती दिली. फाटल्या वर्सानी फकत 20 प्रकरणा निकालात काडप जातले पूण आता 200 प्रकरणां निकालात काडप जाता. निधीचो गैरवेव्हार, बायलां वा भुरग्यांचेर अत्याचार अशा प्रकरणाकडेन खास लक्ष दिल्ले आसा. चालू वर्सात 50 टक्के प्रलंबीत प्रकरणां निकालात काडटले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

खंयच्याय अधिकाऱ्यांन भ्रश्टाचाराक बळी पडचे न्हय म्हुण अधिकाऱ्यांक खास प्रशिक्षण दिवपाची गरज उक्तावन मुख्यमंत्र्यान अधिकाऱ्यांक सरकारी निधीचो योग्य वापर करपाचेर भर दिवपाचो सल्लो दिलो.

दक्षता संचालक श्री. संजीव गावस देसाय हांणी येवकाराचे उलवप केले. भ्रश्टाचार विरोधी उपअधिक्षक श्रीमती सुचेता देसाय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी श्री. शशिकांत कामत हांणी निमणे उपकार मानले.